**बाल कायदेशास्त्राचेर प्रशिक्षण कार्यक्रम**

ता. 10 डिसेंबर 2021

गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगान गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणाच्या जोड पालवान ता. 12 डिसेंबर 2021 दिसा सकाळी 10.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन एडव्होकेट कॉन्फरन्स हॉल, दुसरो माळो, मुंबय उच्च न्यायालय, गोंय, पर्वरी हांगा बाल न्याय (बाल संरक्षण) कायदो 2015 च्या "बाल कायदेशास्त्र" विशयाचेर प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत केला.

हो प्रशिक्षण कार्यक्रम खास करून गोंयांतल्या सगळ्या पुलीस स्टेशनावयल्या बाल कल्याण पुलीस अधिकाऱ्यांखातीर आयोजीत केला. पुलीस म्हासंचालक डॉ. इद्रदेव शुक्ला हांचे हस्तुकीं गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगाचे अध्यक्ष पिटर बोर्जिस आनी गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणाचे वांगडी सचीव श्रीमती सायोनारा लाड तेलीस हांचे उपस्थितीत प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले.

SCAN चे समन्वयक इमीदियो पिन्हो आनी सरकारी वकील नारायण कळंगुटकर प्रशिक्षण कार्यक्रमात मार्गदर्शन करतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1030

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji